**Akashvani Panaji**

**National News**

**22nd July 2025 8.40 am**

संसदेचे पावसाळी अधिवेशन सुरू जाले. हे अधिवेशन २१ ऑगस्टमेरेन चलतले आणि तातुंत २१ बसका जातल्यो. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी संसदेचे पावसाळी अधिवेशन फलदायी आणि समृद्ध चर्चांनी भरलेले आसतले अशी आशा व्यक्त केली, जाका लागुन देशाची लोकशाय बळकट जातली अशे ताणी म्हळे. देशान अंतरीक्ष मळार केल्या कामगिरी विशी ताणी म्हळे

पावसाळ्याचो हंगाम बरो चालु आसप अर्थवेवस्थे कडे कसो जुळता हे सांगताना मोदी हाणी म्हळे

संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनाच्या सुरुवाती आदी माध्यमांकडे उलयताना मोदी हाणी म्हणले, की हे अधिवेशन देशा खातीर अभिमानाचो खीण, आनी आमच्या सामूहिक कामगिरीचो खरो उत्सवआसा. पुराय जगान भारताच्या लष्करी सामर्थ्याचे बळ पळयले. ऑपरेशन सिंदूरात, भारतीय सैनिकांनी १०० टक्के यश मेळोवन दहशतवादा फाटल्या सूत्रधारांक त्यांच्या लिपिल्या सुवानीतल्यान उद्ध्वस्त केले अशे ताणी म्हळे **Byte pehel**

गरीबी निर्मुलन, NDA सरकारान वयर काडिल्ली अर्थवेवस्था, नसलवादा आड कारवाय हेविशीय मोदी उलयले **all bytes garibi, economy, naxal**

---

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हाणी भलायकेच्या कारणा वेल्यान आपल्या पदाचो राजीनामो दिला. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांका बरयल्या पत्रात, धनखर हाणी म्हणले की,भलायकी सेवेक प्राधान्य दिवपाक आणि वैजकीय सल्ल्याचे पालन करपाक, ताणी बेगोबेग भारताच्या उपराष्ट्रपतीपदाचो राजीनामा दिला. त्यांच्या कार्यकाळात राष्ट्रपतींन दिल्या अढळ तेक्याबद्दल त्यांनी त्यांचे आभार मानले. धनखर हाणी प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आणि आदरणीय मंत्रिमंडळाचे मनापासून आभार मानले. त्यांनी सांगले की, प्रधान मंत्रयाचे सहकार्य आणि तेको अमूल्य आसा आणि त्यांनी त्यांच्या कार्यकाळात बरेच किते शिकला. त्यांनी सांगले की, सगळ्या संसद सदस्यांकडच्यान त्यांका मेळिली माया, विश्वास आणि मोग सदाच यादीत उरतलो आणि रुजतलो. या महान लोकशाहीत उपराष्ट्रपती म्हणून मेळील्या अमूल्य अनुभवांबद्दल आणि अंतर्दृष्टीबद्दल ते मनापासून आभारी आसात अशे धनखर हाणी म्हणले.या महत्त्वपूर्ण काळात भारताच्या उल्लेखनीय आर्थिक प्रगती आणि अभूतपूर्व विकासाचे साक्षीदार जावप आणि त्यात सहभागी जावप हो एक विशेषाधिकार आणि समाधान आसां. या देशाच्या इतिहासाच्या या परिवर्तनकारी युगात सेवा करप हो खरो सन्मान आसा अशे ताणी म्हणला

---

संसदेचीं दोनूय सभाघरां आज मेरेन स्थगीत केल्यांत. विरोधी पक्षांनी वेगवेगळ्या प्रस्नांचेर केल्ल्या बोवाळाक लागून लोकसभा स्थगीत दवरली. पहलगाम आतंकवादी

हल्ल्याचेर आनी ऑपरेशन सिंदूराचेर बेगोबेग चर्चा करची अशी मागणी विरोधी वांगडी करताले. सांजवेळा 4 वरांचेर तिसरे स्थगीत जाले उपरांत सभाघर परतून सुरू जाले बरोबर काँग्रेस, डीएमके, समाजवादी पक्ष आनी हेर विरोधी पक्षांनी घोषणा दिवपाक सुरवात केली. सभापतीन निशेध करपी वांगड्यांक सभाघराची कार्यवाही चालू दवरपाचें आवाहन करून सरकार चर्चे खातीर तयार आसा आनी कामकाज सुरू दवरचे अशें सांगलें. बोवाळाच्या वातावरणाक लागून सभापतीन सभाघर आज मेरेन स्थगीत केलें. हाचे आदीं सभाघर तीन वेळा स्थगीत जाल्ले. दनपारा 12 वरांचेर पयलेच खेपे स्थगीत जाले उपरांत सभाघर परतून सुरू जालें तेन्ना काँग्रेस, समाजवादी, डीएमके आनी हेर विरोधी पक्ष घोषणा दित रावले आनी मुखार सरले. विरोधक वांगड्यांक आपली सुवात घेवन शून्य वराक वांटो घेवपाचें आवाहन सभापतीन परत परत केलें. संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलें, सरकार चर्चा करपाक तयार आसा. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हानीय तेंच मत मांडलें. पूण विरोधी सदस्यांनी घोषणाबाजी सुरूच दवरली.

---

गुजरातेत घडिल्ल्या विमान अपघाताविषयी उलैताना केंद्रीय नागरी विमानन मंत्री ram Manohar naidu हानी म्हणले कि

---

कोकण रेल्वेन पयलेच फावट सांगले की ते महाराष्ट्रातल्या कोलाड आणि गोयातल्या वेर्ना मजगती खाजगी गाड्यां खातीर विशेष रोल-ऑन-रोल ऑफ (रो-रो) ट्रेन सेवा २३ ऑगस्ट ते ११ सप्टेंबर मजगती चलयतले. कोकण रेलवेन जारी केल्या प्रसिद्धीपत्रकाप्रमाण, प्रत्येक ट्रेनीत प्रत्येक ट्रीपात ४० मेरेन गाडयो व्हरपाक शकतात, जातुन २० वॅगनपैकी प्रत्येकी दोन गाडयो भरतले. संलग्न ३ एसी वा दुसऱ्या आसनाच्या डब्यांत प्रत्येक गाडयेक चडान चड तीन प्रवासी प्रवास करपाची परवानगी आसतली. एकूण कार येरादारी खर्च ₹७,८७५ आसा प्रवासी भाडे स्वतंत्रपणान आकारतले. गणपतीच्या हंगामात उत्सवाचो प्रवास सुलभ करपाक ही विशेष सेवा सांजे ५ ते सकाळी ५ मेरेन चलतली. बुकिंग कालसावन सुरू जाल्या आणि १३ ऑगस्ट मेरेन करपाक शकता

---

बांगलादेशच्या इंटर-सर्व्हिसेस पब्लिक रिलेशन्स (ISPR) न माहिती दिली की,काल दनपारा ढाकाच्या उत्तरा भागात बांगलादेश हवाई दलाचे जेट विमान कोसळील्यान पायलट सयत किमान २० जाण मरण पावले आणि १७१ जण जखमी जाले. ISPR प्रमाण, बांगलादेश हवाई दलाचे F-7 BGI विमान दनपारा १:०६ वराचेर प्रशिक्षण उड्डाणाखातीर गेले आणि त्या उपरांत रोखडेच ढाकाच्या उत्तरा भागातल्या माइलस्टोन स्कूल अँड कॉलेज कॅम्पसात कोसळले.

---